# Panaji regional news 10 oct 2025 ,7.20pm

## मंत्री विश्त्वजीत

मडगांव: मडगावच्या दक्षिण गोंय जिल्हाे इस्पितळात सध्या कर्मचारी उणे आशिल्ल्यान येत्या काय दिसांत ह्या हॉस्पिटलात दोतोर आनी नर्सींची भरती करतले. भलायकी मंत्री विश्त्वजीत राणे हांणी आयज ही म्हायती दिली. आयज मडगावा संवसारीक मानसिक भलायकी दिसा निमतान घडोवन हाडिल्ल्या एका कार्यावमळीखातीर राणे हांणी दक्षिण गोंय जिल्हाे हॉस्पिटलात भेट दिल्ली.सध्या भलायकी खात्यान १०० नव्यो नर्सी भरती केल्यात. तातूंतले ५० नर्सी मडगाव हॉस्पिटलाखातीर धाडटले. दोतोर आनी हेर कर्मचारी भरती करपाखातीर सध्या मुलाखती घेवप चालू आसा. ही प्रक्रिया पुराय जाल्या उपरांत तांतल्या दोतोरांची नेमणूक मडगावां करतले आनी गरज पडल्यार कंत्राटी पद्धतीने ह्या हॉस्पिटलात डॉक्टर नेमतले अशी म्हायती तांणी दिली.ते आदी राज्य टेेलेमानस गोवा आनी भलायकी खाते हांचे जोडपालवान दक्षिण गोंय जिल्हो हॉस्पिटलात आयज संवसारीक मानसिक भलायकी दिसाची कार्यावळ जाली. त्या कार्यावळीचे उक्तावण राणे हांणी केले. प्रधानमंत्री नरेंद्र माेदी हांणी टेलेमानस ही संकमना फुडे हाडिल्ली. हे सेवेखातीर जायत्या तरणाट्यांच्यो समस्या उण्यो जाल्यात. ही सेवा २४ वरां चालू आसून फाटल्या दाेन वर्सांत गोंयांत सुमार दोन लाख लाेकांनी हे सेवेचो फायदाे घेतलो अशें सांगलें.ह्यावेळार टेलेमानस ह्या उपक्रमाखाला घेतिल्ल्या वेगवेगळया स्पर्धांच्या जैतवंतांक इनामा वाटली. टेेलेमानस डॉक्टर आनी सल्लागारांचो ह्यावेळार भौमान जालो. दक्षिण गोंय जिल्हो हॉस्पिटलाचे वैजकी अधीक्षक डॉ. राजन बोरकार हांणी सगल्यांचे उपकार मानले.

## मंत्री विश्त्वजीत

गंभीर दुयेंसां आशिल्ले दुयेंती, तशेंच तांच्या कुटुंबियांक उपचारा बगर हेर तरेचे विशेष काळजीची गरज आसता. राज्यांतल्या दरेका हॉस्पिटलांत अशी सुविधा दिवपाक यत्न सुरू आशिल्ल्याचें भलायकी मंत्री विश्वजित राणे हांणी सांगलें.

शुक्रारा गोमेकोंतल्या सुपर स्पेशालिटी ब्लॉकांत पॅलेटीव्ह केअर सेवेच्या उक्तावणा वेळार ते उलयताले.

ह्या वेळार डॉ. युरी डायस अंबोरकार, पूजा सिंग, डॉ. कार्ल जेम्स आनी हेर विभाग मुखेली हाजीर आशिल्ले.

पॅलेटीव्ह केअर धोरण तयार करून ती सेवा सुरू करपी गोंय हें देशांतलें पयलें राज्य. घरांतल्या दुयेंत आनी जाण्ट्या मनशांक अशे सेवेची गरज आसता. म्हज्या घरांतूय अशे मनीस आसात. म्हाका तांचो त्रास समजता. हांव जे तरेची पॅलेटीव्ह केअर घेतां ते पद्धतीची सेवा गोंयच्या सामान्य दुयेतींक मेळची म्हूण हो उपक्रम सुरू केला.

आमकां पेडण्यांची फुडल्या वीस वर्सांची गरज पुराय करपी हॉस्पिटल जाय. तुयें हॉस्पिटला खातीर गतरजेची यंत्रणां, मनीस बळ, डॉक्टर, तज्ञ आनी हेर गजाल मेळ्ळे उपरांत आमी ते ताब्यांत घेतले, अशें मंत्री राणे हांणी सांगलें.

**माविन गुदिन्हो**

40

सेथू सेंटर फॉर चाइल्ड डेव्हलपमेंट अँड फॅमिली गाईडन्स आणि स्टेट कमिशन फॉर पर्सन्स विथ डिसॅबिलिटीज यांच्या सहकार्यान आंतरराष्ट्रीय पर्पल फेस्टात आयोजित "समावेशक कार्यस्थळांमदी विविधतेच्या शक्तीचो वापर करून नवोपक्रम आणि विकासाक चालना दिवप" या विषयावेल्या पर्पल प्रगती सेमिनाराचे उकावण येरादारी मंत्री  माविन गुदिन्हो हाणी  केले.

**ब्युटी केअर असिस्टंट अभ्यासक्रम**

राष्ट्रीय शिक्षण धोरण (एनईपी) खाला कुशळटाय आदारीत शिक्षणाचे दिकेन म्हत्वाची उडी मारून,बोरीच्या स्वामी विवेकानंद विद्याप्रसारक मंडळाच्या

वाणिज्य महाविद्यालयात फोंडांतल्या वीस चलयांनी, कुशळटाय विकास आनी उद्देजकत्व मंत्रालय, भारत सरकाराच्या कौशल्य भारताच्या उपक्रमांतल्यान जन शिक्षण संस्था पर्वरी हांणी आयोजीत केल्लो 240 वरांचो ब्युटी केअर असिस्टंट अभ्यासक्रम यशस्वीपणान पुराय केलो.

हो अभ्यासक्रम वेव्हारीक प्रशिक्षण आनी तोंडी परिक्षा चांचण्यांचो मेळ आसा, जो विद्यार्थ्यांक सोबीतकायची वळख, कामाच्या सुवातेर तयारी, कातीची जतनाय, केंस काडपाची सेवा, मॅनीक्योर आनी पेडीक्योर, मेकअप, केंस घालप, मेहंदी डिझायन आनी अशीं बाजारपेठे खातीर कुशळटाय दिता.

कुशळटाय आदारीत शिक्षणाच्या एनईपीच्या दृश्टीकोना प्रमाण, ब्युटी केअर असिस्टंट कार्यावळ विद्यार्थ्यांक स्वताच्या रोजगाराच्यो संदी सोदून काडपाक आनी कुशळ कामगार बळ तयार करपाक सशक्त करता. अशे प्राचार्य डॉ.पेडनेकर हाणी सांगले, अभ्यासक्रम समन्वयक गायत्री बेहरे आनी फ्लोरेंसिया सौझा. हाणी ह्या अभ्यासक्रमात भुरग्याक मार्गदर्शन केले.

## 180"मानसीक भलायकी

स्वामी विवेकानंद विद्याप्रसारक मंडळाच्या वाणिज्य महाविद्यालयाच्या मार्गदर्शक कक्षान "मानसीक भलायकी हो एक सार्वत्रिक हक्क: संकश्टाच्या काळांत आमची वांटून घेतिल्ली जापसालदारकी" ह्या विशयाचेर आज संवसारीक मानसीक भलायकी दीस मनयलो. मानसीक बऱ्यापणाचें म्हत्व आनी संकश्टाच्या काळांत मानसीक भलायकी सांबाळप ही सगळयांची वांटून घेतिल्ली जापसालदारकी आसा हाचेर भर दिवप हो ह्या कार्यावळीचो हेत आशिल्लो. विद्यार्थ्यांच्या मानसीक बऱ्यापणा खातीर मार्गदर्शक कक्षान दिल्ल्या सहभाग, सहानुभूती आनी वांटेकारपणाचे म्हत्व सांगले. प्राचार्य अच्युत पेडणेकार हांणी ह्या वेळार उलोवप केलें. संकश्टाच्या वा ताणाच्या वेळार , लक्ष दिवपी आनी

आदार दिवपी दरेकल्यान दुसऱ्यांक मजत करपाक कशें योगदान दिवंक शकता हाचेर तांणी भर दिलो. हाचो एक भाग म्हूण विद्यार्थ्यांनी मानसीक भलायकेची जागृताय आनी सहानुभूती आनी संवादांतल्यान आव्हानांक तोंड दिवपी व्यक्तींक आदार दिवपाचें म्हत्व हांचेर लक्ष केंद्रीत करून एक कृतीचें नाटक सादर केलें. विद्यार्थ्यांनी “बरें जेवण, बरो मूड” नांवाचो एक उपक्रम आयोजीत केलो. तातूंत बऱ्या पोशणाचो आनी सकारात्मक मानसीक भलायके मदलो संबंद दाखोवपी आठ खाणां-जेवणाचे स्टॉल आशिल्ले. सहभाग आनी शिक्षणाच्या माध्यमांतल्यान जागृताय करपा खातीर मानसीक भलायके विशीं एक ल्हानशी प्रस्नमाचीय ह्यवेलार घडोवन हाडली.

**आदर्श फावंडेशनान**

वेरे वागुर्मे हांगा  प्रभु नगर फोंडाच्या आदर्श फावंडेशनान केक तयार करपाचें शिबिर आयोजीत केलें. सुमार 70 बायलांक ह्या शिबिराचो फायदो जालो. दीसभर चलपी ह्या शिबिराचें मार्गदर्शन शिक्षक अमिता पै हांणी केलें. समाई उजवाडावन कार्यावळीचें उक्तावण जालें. मुखेल सोयरे म्हणून वेरे वागुर्मेचे सरपंच शोभा पिरणी  आनी आदर्श तोरास्कर हे कार्यावळींत सोयरे म्हणून हाजीर आशिल्ले.आदर्श फावंडेशनाच्या आदर्श तोरास्करान ह्या संदर्भार उलयतना मानेस्तांक येवकार दिवन प्रस्तावना मांडली आनी हें 30वें शिबिर आसा अशें सांगलें. आदर्श सेवा फावंडेशन बायलांक सशक्त करपा खातीर जायते उपक्रम चलयता आनी फुडाराकय बायलां खातीर अशे खाशेले उपक्रम चालीक लायतले अशें तांणी सांगलें. उक्तावणाच्या निमतान उलयतना सरपंच शोभा पिरणी हाणी, आदर्श सेवा फावंडेशन सदांच बायलां खातीर वेगवेगळे उपक्रम चालीक लायतात. आदर्श फावंडेशन बायलांक अर्थीक तशेंच तंत्रीक नदरेन सशक्त करपा खातीर मदत करता. घरगुती आनी दर्जेदार केक गिरायकां मेरेन पावयतना बायलां सशक्तीकरणाचें व्हडलें काम ह्या फावंडेशनान केलां अशें सरपंच शोभा पिरणी हांणी सांगलें.

**मर्यादीत उदकाची पुरवण**

70

मडगांव: दक्षिण गोंयांत उदका पुरवण करपी शेळपे - सांगे हांगासावन  दक्षिण गोंयांत उदका पुरवण करपी पायपलायन आनी उदक शुध्दीकरण प्रकल्पाचें दुरुस्तीचें काम सोमारा, 13 ऑक्टोबराक हातात घेतले. त्या दिसा त्या खातीर सकाळीं 9 ते सांजे 5 मजगतीं उदका पुरवण करपी प्रकल्प बंद दवरतले. हाका लागून 13 आनी 14 ऑक्टोबराक सांगे, कुडचडे, केपे, सावर्डे, कुडतरी, कुंकळ्ळी, वेळ्ळी, बाणावली, मडगाव, फातोर्डा, नावेली, नुवे, कुठ्ठाळी, दाबोळी, वास्को आनी मुरगांव मतदारसंघांनी उदका पुरवण मर्यादीत आसतली अशी म्हायती उदका खात्यान दिल्या.

## खबरा वाचका

आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचका खातीर अर्ज मागयता. पदवी धर कोंकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अर्ज पावपाची निमणी तारीख 20 oct आसा. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे संपर्क साधचो.